| | | | |
|---|---|---|---|
| <?xml version="1.0" ?> | | | |
| <?xml-stylesheet type="text/css" href="home.css"?> | | | |
| <Doc id="kon-w-media- | KON-016(b) | " | lang="konkani"> |
| <Header type="text"> | | | |
| <encodingDesc> | | | |
| <projectDesc> | CIIL-Konkani Corpora, Monolingual Written Text | | </projectDesc> |
| <samplingDesc> | Simple written text only has been transcribed. Diagrams, pictures and tables have been omitted. Samples taken from page 70-71, 80-81, 90-91, 100-101, 110-111. | | </samplingDesc> |
| </encodingDesc> | | | |
| <sourceDesc><br><biblStruct><br><source> | | | |
| | <category> | Aesthetics | </category> |
| | <subcategory> | Literature-Story | </subcategory> |
| | <text> | Book | </text> |
| | <title> | Adrust Ani Arayanyakand | </title> |
| | <vol> | | </vol> |
| | <issue> | | </issue> |
| </source> | | | |
| <textDes> | | | |
| | <type> | | </type> |
| | <headline> | Arayanyakand | </headline> |
| | <author> | Mr. Mahabaleshwar Sail | </author> |
| | <translator> | | </translator> |
| | <words> | 2071 | </words> |
| </textDes> | | | |
| <imprint> | | | |
| | <pubPlace> | India-Goa | </pubPlace> |
| | <publisher> | Jaag Prakashan | </publisher> |
| | <pubDate> | 1997 | </pubDate> |
| </imprint> | | | |
| <idno type="CIIL code"> | | CIIL 86103 | </idno> |
| <index> | | KON-016 | </index> |
| </biblStruct><br></sourceDesc> | | | |
| <profileDesc><br><creation> | | | |
| | <date> | 12-Sep-2007 | </date> |
| | <inputter> | T. Renuka | </inputter> |
| | <proof> | | </proof> |
| </creation> | | | |
| <langUsage> | | Hindi | </langUsage> |
| <wsdUsage> | | | |
| <writingSystem id="ISO/IEC 10646">Universal Multiple-Octet Coded Character Set (UCS).<br></writingSystem> | | | |
| </wsdUsage> | | | |
| <textClass> | | | |
| <channel mode="w"> | | print | </channel> |
| <domain type="public"> | | | </domain> |
| </textClass> | | | |

| | | |
|---|---|---|
| </profileDesc><br></Header> | | |
| <text><body> | | |
| <p> | हो लोक केन्ना खंयच्यान हांगा पावलो हाचेविशीं एक खबर घोळटिकेंत आसली. हांचो पूर्वज केन्नातरी घणसा बैल घेवन ह्या गांवांत बायल भुरग्यांसयत पोटाक मागूंक आयिल्लो. व्हडलो हती कसो हो नंदी. भरजरी वस्त्रान, घांटीमाळेन सोबयिल्लो तो बैल ह्या गांवांत पावतकीर कशान तरी मेलो. मगेर ताका हांगाच पुरलो. ताचेर फातोर दवरून तो घणसोवैलकार आठ दीस रडटालो. गांवच्या लोकानी ताका समजायलें, आनी धीर दिवन म्हटलें, 'तशें जाल्यार तूं ह्याच गांवांत राव, बायल भुरग्यांक घेवन. गांवाची तुका राखण मेळटली.' | </p> |
| <p> | गांवाची राखण मेळ्ळी खरी. पूण ती आदीं गोरवां राखणो म्हण आनी उपरांत तांच्या शेतांतलो कामदार म्हण. | </p> |
| <p> | लोक आंगान घटमूट. गोरेशे मोटवेच. एकेक दादलो म्हटल्यार घाण्याचें मूळ. कामाक वाग. पिळग्यान पिळग्यांचे कस्ट आनी दणदणे हांकां लागून बावड्यांक आगळीच घटसाण आयिल्ली. पूण ते वावळे अन्यायाआड केन्ना फुरफुरलेच नात. बैलांवरी ते मानेर जूंव घेवन तासांतल्यानच भोंवत रावले. आपसांतलीं झगडीं आनी मारामारी सोडल्यार तांचें दादलेपण आनीक खंयूच दिस्टीक पडनासलें. बायलो तर झगड्ूंक चडच मुखार. आपसांत कँच कँच करून झगडपी खरे पूण हांचे वसतेर गांवचो कोणीय आयल्यार हे तांचे मुखार हात जोडून उबे रावताले. ताचें सांगणें आनी ताचें धमकावप मोन्यांनी आयकोन घेताले. | </p> |
| <p> | कारण, हांगाय कर्जाचें जूंव तांच्या खांदार आसलें. तें शेडावन उडोवंचेली हिकमत आनी हिंमत तांच्यांत मातूय नासली. | </p> |
| <p> | पुराय गांव पावस सोंपलो म्हणटकीर उदकाक बांयचेरच पातयेवन रावतालो खावंक, न्हांवंक, पोरसूं भाजी शिंपूक बांयचेंच उदक. एकादर्या वर्साक पावस मुखार गेलो जाल्यार बांयची खोलाय सकल देवंक लागताली. मगेर गांवाचेर आकांत येतालो. केन्ना आठ-धा वर्सांतल्यान एकादरो पावस सुकोच वयतालो. मगेर गांव पडींग पडिल्लेवरी जातालो. पयशेकार पयशिल्ले न्हंयेंतल्यान रासवळ बैलगाड्यांचल्यान उदक हाड्टाले. आशिल्लो दाणोगोटो राखून राखून खाताले. गरिवांची मात दैना जाताली. | </p> |
| <p> | वेळ माथ्यावेल्यान देंविल्लो तरीय वोताचो रखरख उणो जावंक नासलो. वाळप्पान आपले खोंपिच्या दारार उबो रावन दोळ्यांर हात दवरून व्हडान म्हटलें, 'मळबाचो पडींग तिठो जाला. आतां आनीक ह्या वाठारांत उदक रकतलें अशें दिसना. आमी बिटकी कवळची.' | </p> |
| <p> | जेनान भायर येत म्हटलें, 'खंय खंयच्या वंळखदेख नाशिल्ल्या परंतराक वयतले आमी? केन्ना गांवांतल्यान भायर पडल्यात मुरे? फाटीं केन्ना असोच आकांताचो दुकळ पडिल्लो म्हणटात तेन्ना हेच वसतेचेर आठ धा मडीं पडिल्लीं खंय. आतांय आमचें तशेंच जावंये.' | </p> |
| <p> | गंगाराम, दत्तू, आपआपणाल्या घरांतल्यान भायर येयले. बाळप्पान म्हटलें, 'काल गांवच्या लोकाचो उदकाचो गाडो येताना हणमंताल्या पोरान हाणयेंतल्यान एक तांबयो उदक काडून घेयलें. तर ताका गाडेकारान असो मार दिलो, पोर खोंपीत येवन पडिल्लो अजून उठलो ना. आमी अशें करुंया, कांय दीस न्हंये तडीर खंयूय वचून रावंया.' | </p> |
| <p> | जनाप्पान म्हटलें, 'न्हंय हांगाच्यान अठरा मैलांर. थंय वचून खातले किते? फक्कत उदकच | </p> |

| | | |
|---|---|---|
| | पिवन रावतले? हांगा गांवांत वचून भीक मागल्यार तरी कितेंय मेळटा. खुंटलो घालून जायना, कितेंय उडयतात खोळियेंत.’ | |
| <p> | ‘हय आनी समजा आमी वसती सोडून गेले आनी फाल्यां पडींग उजाड वसती म्हण कोणें खोंपी हुलपावन उडयल्यो जाल्यार?’ | </p> |
| <p> | वसती घेर यवजणुकेंत पडिल्ली. बायलो आपल्यो साडयो गुठलावन राजवांक वांदून तिनसांजच्यो बांयांत उडोवन दवरताल्यो आनी सकाळीं उठून उदक पिळून घेताल्यो. दादले सकाळीं उठून त्या एका गांवाभायर आनीक गांव माडोवन कितेंय काम धंदो करून आटोव पड हाडटाले. | </p> |
| <pic> | | </pic> |
| <p> | बाळप्पा आपणाल्या बायले भुरग्यांक घेवन दार उकतें करून पयलीं भितर गेलो. भितरली तीन फातरांची चूल निकतीच कोणें तरी उदक मारून पालयल्या अशी दिसताली. अर्द जळिल्लीं लाकडां चुली म्हर्यांत पडिल्लीं. सुकिल्ले उश्टें, भाकरेचे कुडके खंयखंय सांडिल्ले. पिनकी बोतरांय थंय लांबतालीं. एका कोनशाक एक गळो गेल्ली मडकी, एक पिनकें सूप आसलें. | </p> |
| <p> | बाळप्पाचे बायलेन उमेदच नाशिल्लेवरी म्हटलें ‘कोण खंयचीं, खंयचे जातिचीं मनशां रावन गेल्यांत कोणाक खबर. गेलीं कित्याक म्हण तर तीं?’ | </p> |
| <p> | ‘हें चय दुरपदी, आतां हेर कांयच चिंतूक फावना. आतां हांगा पावल्यांतच. भुरग्यांक घेवन रावचें. गांवांत तरी हाचेपरस कितें बरें आसलें?’ | </p> |
| <p> | ‘खोंप काय जायना, तें आमचें घर आसलें, गांवांत संवकळ आसली. हांगा हें अटंगें रान. म्हाका ह्या रानाची भिरांत दिसता.’ | </p> |
| <p> | ‘हातावेल्या पोटाचीं मनशीं आमी. रान जावं मळ जावं, जितें रावप.’ | </p> |
| <p> | बाळप्पा मोट्या हाडाचो ऊंच आनी गोरो मनीस आसलो. पोले फुगरे आनी व्हड चवखणी चेहरो, मानेपसून चड मुखार आयिल्लोसो. तरीय चेहरो गोबरोसो आशिल्ल्यान तो खुबच निस्तेज दिसतालो. इल्लो समजिकायेचो आनी पिरायेनय व्हड आशिल्ल्यान हे लोक ताका मान दिताले. | </p> |
| <p> | बाळप्पा भायर येयलो आनी हेरांच्या कुडींसरीं गेलो. जनाप्पाची बायल विठाय थंय पडिल्लो सान्नीखुंटारो घेवन सरसरीत कूड झाडटाली.‘’ | </p> |
| <p> | पूण गोपूक अजून रावंक ठिकाण नासलें. तो कुशीक एका झाडापोनाक बायल, भुरगीं आनी पोटल्यो घेवन वोगी बशिल्लो. थंयच पांय बांदिल्ल्यो दोन कोंबयो आसल्यो. बसींत ताणे त्यो पोतयेंत घालून दवरिल्ल्यो. त्यो आतां भायर काडिल्ल्यो. | </p> |
| <p> | गंगाराम पारपतदाराचेर तणतणटालो. ‘तो उणे जातिचो. आमचे वांगडा तो रावंक फावना.’ | </p> |
| <p> | गंगाराम आदींच तापट तकलेचो. ताणे उलयल्यारूय तो झगडूंक येता अशें दिस. मोटवो काळसो गंगाराम उडलोसो करून चमकतालो आनी तीख आवाजान उलयतालो. केन्ना उलोवंक लागल्यार उलोवपाची लूंव चडिल्लेवरी व्हडा व्हडान एका सारको उलयत रावतालो. | </p> |
| <p> | थंय सगळ्यो स कुडी आशिल्ल्यो. हे चार घराबे चार कुडिंनीं घुसतकीर मदीं एक कूड सोडून निमाणे कुडींत ताणे गोपूक घाले. तर गंगाराम आनिकच बोब मारूंक लागलो. ताका त्या कामाक दत्तूय मेळळो. | </p> |
| <p> | आतां पारपतदार उठलो आनी वयर क्रशरासरीं गेलो. तांच्या बिराडांकडच्यान वयर शंबर | </p> |

| | | |
|---|---|---|
| | वांवार क्रशर आसले. पारपतदार येताना आनी□ दोगां□ घेवन येयलो. ए□लो □ाळो ऊंच आनी धटमूट दादलो आसलो. दुसरो खा□ी □पड्यांतलो राखणदार □सो आसलो. दोगांल्याय हातांत लांव तोणे आसले. तो □ाळो दादलो उ□तोच आसलो आनी बरोच निवर दिसतालो. ताणे येताना दर ए□ □ु□िच्या पत्र्यार दां□ो मारून पत्रे वाजयले. मगेर तो गोपूले □ु□ी□ □ेन वचून उबो रावलो. ताणें धप□ायत म्हटलें, 'हो □ामदार हांगाच रावतलो. हांगा जातबीत लागना. जात तुमच्या गांवांत. हांगा तुमची जात □ामदाराली.' | |
| <p> | गंगारामान म्हटलें, 'तशें जाल्यार आमी आयले तशेच परते चलूं□ लागतले.' | </p> |
| <p> | तें आय□ून पारपतदार उसळळो, 'परतो चलूं□ लागतलो खंय! भारोभार पयशे दिल्यात सय घेवन हजारांनी. ना□पणां □ल्यार जेलांत प□टले.' | </p> |
| <p> | तो □ाळेलो म्हणूं□ लागलो, 'फाटल्या पोंव्यांत तुजेसार□ोच ए□लो आसलो फीन त□लेचो. हा□ां मो□ून घरांत घालत□िर □ळळें ता□ा. आतां तुवें आनी□ आवाज □ल्यार फातर्रावांग□ा तु□ा क्रशरांत उ□यतलो.' □ांय वेळ ते मां□ूनशे थंय उबे रावले आनी मागीर उठून गेले. वयताना पारपतदारान सांगलें, 'हो रस्तो बळाटून स□ला वयत□िर ए□ ल्हानसो व्हाळ आसा. थंयच्यान उद□ हा□चें. वर्सभर उद□ उरता त्या व्हाळांत. आयज रातचें तुमचे□ □ेन आशिल्लें □ि तेंय खायात. फाल्यां बाजारांत पसर्यार दर ए□ल्याल्या नांवार दाणोगोटो मेळटलो. पसर्यावेल्या सामानाचें बील साव□ार भरतलो. हातांत पयशे मेळचेनात. □न्ना पांच धा हातार उ□यतले. पसर्यावेल्यान फाव तो दाणोगोटो घेवंचो. व्हाळाचे □ोणींत उद□ भरून व्हांवता.' | </p> |
| <pic> | | </pic> |
| <p> | त्या दिसा रेणू बिरा□चेरच आसले. □ांय वेळान नरसूय हातांतलें खोरें थंयच उ□ोवन खंय नाsच जालो. | </p> |
| <p> | बिठाय□ आदींच इल्ली सुलूस लागिल्ली जावंये. आतां ति□ा बेठोच दुबाय येयलो. तिणें □ांय वेळान मु□ादमा□ म्हटलें, 'हांव मातशें बिरा□ार वचून येतां.' | </p> |
| <p> | '□ि त्या□ गो? तुजेंय भुरगें दुदा□ तानेलां □ाय □ि तें गो?' | </p> |
| <p> | जाणटिशी बारी□ आंगलोटाची विठाय मातशी लजेली आनी मगेर तिणे धुल्लान भरिल्लें □ाप□ झा□लें आनी ती बिरा□ावटेन चलूं□ लागली. | </p> |
| <p> | बिरा□ार ल्हान व्हड भुरगीं सामर्□ी □ल□ल □रतालीं. पिसो गुं□ाप्पाय तांचेवांग□ा बोवाळटालो. पूण तिणे येवन पळयल्यार रेणू बिरा□ार ना; नरसूचीय खंय सुलूस ना. | </p> |
| <p> | थंय दत्तूलें धा बारा वर्सांचें चे□ूं जायू आसले. ता□ा □ुशी□ आपोवन विठायन विचारलें, 'आगो, तुवें रेणू□ पळयिल्ले?' | </p> |
| <p> | 'ना, ना. हांवें पळोवं□ ना.' | </p> |
| <p> | 'नरसू□ पळयिल्लें?' | </p> |
| <p> | 'ना, ना. म्हा□ा खबर ना!' | </p> |
| <p> | तें उतराउतरा□ लजलेशें, मो□लेशें □रतालें. विठायन धप□ायत म्हटलें, 'रां□ला, खरें सांग. नाजाल्यार ए□ प□टलें तुजेर. सांजचें तुज्या बापाय□ सांगतलें.' | </p> |
| <p> | तें पोर भियेल्लेवरी जालें. ताणें ल्हवचीर आवाजानशें सांगलें, 'येदोळ भितर □ु□िंतच आशिल्लीं तीं.' | </p> |
| <p> | '□ोणाले □ु□ींत?' | </p> |

| | | |
|---|---|---|
| <p> | ‘रेणूगेल्याच. रेणून झिंग्याची चटणी आनी भाकरी वाडिल्ली ताका.’ | </p> |
| <p> | ‘मगेर आतां खंय गेलीं?’ | </p> |
| <p> | ‘हे मुखावेले वाटेन दोंगरार गेल्यांत.’ | </p> |
| <p> | विठाय रागान भिरभिरिल्लेवरी जाली. सामकी ती दोंगराचे वाटेन वचूंक लागली. व□गी ल्हव पावलांनी ती चलताली. | </p> |
| <p> | दोंगरार एका तळपा सकल झाडा आडसराक तीं द□गांय पडिल्लीं, नाग आनी नागिणीवरी द□गांय कूड सामकी वेस्टावन घेवन. | </p> |
| <p> | पळ□वन विठायक सामक□ थरथर□ भरल□ हातापायांतलें त्राण गेल्लेवरी आनी भेरेल्लेवरी कांय वेळ ती थंय उबी रावली. मगेर ल्हवूच आवाज करिना-सताना ती परतली. एक धेंगण देंवन दोंगराचे कडेर उबी रावन आतां ती चेड्याक व्हडाव्हडान साद□वंक लागली, ‘नरसू, नरसू रे ss’ | </p> |
| <p> | कांय वेळान जाप येयली आनी मगेर त□ एकल□च दोंगर देंवन रानांतल्यान भायर येताना दिस्टीक पडल□ विठाय कांय एक उलयनासताना बद्द क्रशरार येयली आनी कामाक लागली. सांजभर ती क□णाकडेन एक उतर उलयली ना. | </p> |
| <p> | रातच□ मात तिणें स□मत□ रणखेव मातयल□ ती ग□पूक, ग□पूले वायलेक आनी रेणूक हिस्त हिस्तीन खेपताली आनी सिराप घालताली. तिच□ आवाज फातरार तांब्याचें आयदन आपटिल्लेवरी घुंवताल□ परती परती ग□पूल्या दारार वचून म्हणटाली, ‘ह्या तुज्या शिनाळ चेडवाक वयर व्हडल्या तळपार व्हर आनी थंयच्यान धुकलून दी. ना तर तुज्याच हातान ग□मटी आंवूळ. म्हज्या चेड्याक घेवन वचून दोंगरार झिलींत पडटा!’ | </p> |
| <p> | ग□पू व□गी वसून आसल□ तागेली बायल मर्दीच चेडवाले फाटीर धुमक□ घालून ताका संवताली. | </p> |
| <p> | जनाप्पा मर्दीच भिजूड दादल्यावरी बायलेक ‘व□गी राव ग□, व□गी राव’ करताल□ | </p> |
| <p> | बर□च वेळ थंय कलकल चल्ल□ आनी मगेर जाळ न्हिविल्ले चुलीवरी थंड पडल□ | </p> |
| <pic> | | </pic> |
| <p> | सगळ्यांल्या विराडार चिमणेदिवे जळटाले. वयलेवटेच्या रानाच□ सांवळ□ काळ□ख चडच दाट जावन वसतेर लकून येयिल्ल□ चिमणे दिव्याच्या काळशा उजवाडांत काळखावटेन बशिल्ल्या ह्या ल□कांक व□गीच दिसतालें, आतां क□णतरी वसतेर घुरी घालूंक येयतल□ हाणामारिच□ कल्लेव जातल□ एक द□न मुडडे पडटले. रानभर काळ□ख, भिरांत आनी पातळिल्लें गरिबपण, असहायपण! बायल□ रातचें रांदप स□डून ब□गी बशिल्ल्य□ | </p> |
| <p> | इतल्यांत ब□वाळ आयकोंक येयल□ ‘आवय गे, क□ण त□? धरा रे ताका!’ | </p> |
| <p> | वयर ब□वाळ चलतानाच जनाप्पाल□ चेड□ नरसू वयल्यान धांवन येतना ल□कांक दिसल□ त□ सामक□ धांपेताल□ हुमेन बुडिल्ल□ आनी तागेल्या द□ळ्यांतल्यान रगत निर्शेता अशें दिसतालें. चिमणे दिव्याच्या उजवाडान तागेल□ फुलिल्ल□ चेहर□, तांबडे द□ळे, थरथरपी कूड पळ□वन त□ धाकटुल□ सैतान कस□ तांकां दिसल□ | </p> |
| <p> | वयलेवटेन ब□वाळ सुरूच आसल□ मगेर कांय वेळान जीप सुरू जाल्ल्याच□, जीप वयता त□ आवाज येयल□ आनी ब□वाळ उण□ जाल□ | </p> |
| <p> | जाल्लें अशें. सावकार काशीराम लागसारच एके कुडिच्या दारांत खुर्चेत बशिल्ल□ आनी वाट पळयताल□ तकलेवयर विजेच□ दिव□ जळटाल□ आनीक द□गतीगजाण थंय भायरभितर उबे | </p> |

| | | |
|---|---|---|
| | आसले. तेन्ना कोणेतरी झाडांच्या आडसरांतल्यान जुस्त सावकाराचे तकलेर फातर मारून तागेली तकली फोडिल्ली. आतां ताका ताकतिकेन जिपींत घालून आस्पत्रेंत व्हयल्लें. | |
| <p> | वसतेर सामकी भिरांत पातळिल्ली. नरसूचेंच तें काम म्हण सगळे जाणा आसले—पूण ते आंगां ओडून घेवन वोगी आसले. ताचें नांव आपसांत फुतफुतय लेगीत नासले. | </p> |
| <p> | इतल्यांत रुद्रापा, आनीक चारपांच जाण हातात दांडे घेवन वसतेर येयले. चौंयवटेन काळोख आनी वसतेर ते काळावरी उबे. तांणी गर्जण मारली, 'सावकाराचेर फातर कोणे घायलो? सांगात ना तर एकएकल्याक बडोवन मारून उडयतले.' | </p> |
| <p> | सगळे जाण वोग्गी. | </p> |
| <p> | 'सांगतात काय ना?' सटकरून कोणाचेर तरी पयलो दांडो पडलो. ते सरशीं तो 'हांव नकळं रे बाबा' म्हणत काळखावटेन धांवलो. | </p> |
| <p> | मगेर मेळत ताचेर दांडे पड्ंक लागले. बायल म्हण ना, भुरगीं म्हण ना, सगळ्यांच्यो बोवो आनी हुयेली. | </p> |
| <p> | कोण रानावटेन धांवले, कोण कुडींत वचून खांची कोनश्यांनी लिपून रावले. वायलो आपल्या ल्हानसान भुरग्यांक पोटापोनांत घेवन पडिल्ल्यो. तांचेरय वयल्यान दांडे पडले. | </p> |
| <p> | मगेर ते 'रेणू खंय' म्हणत गोपूल्या विरडांत घुसले. पूण भितर कुडींत कोणच नासलो. गोपू, गोपूली वायल, रेणू खंय वचून खंयच्या तळपाआडचे घळींत ना तर झिलींत वचून पडिल्लीं, कोण जाणा. | </p> |
| <p> | ते आनीक मातशे वसतेर नाचले. आनीक चार जाणांचेर तांणी दांडे घातले. वचचे पयलीं तांणी शिटकायलें, 'कोणें सावकाराचेर फातर घालो तें बरेंभशेन येवन सांगात. ना तर फाल्यां सकाळीं पोलीस येवन सगळ्यांक घेवन वयतले. व्हरून जैलांत कुसोवंक उडयतले. सकाळमेरेन क्रशराचेर येवन कितें तें सांगात.' | </p> |
| <p> | मगेर ते थंयचे उठून गेले, वसतेचेर वरोच वेळ मुसुंड शांतताय पातळ्ळी. वर देडवर अशेंच गेलें. भुरगीं लेगीत भिवन गुळी जावन वोग्गी पडिल्लीं. | </p> |
| <p> | मगेर लिपिल्लेकडच्यान एकएकलो उठून वसतेर येयलो. गोपूलो घरावोच येवन काळखांत आंग लिपोवन उबो रावलो. | </p> |
| <p> | बाळप्पान म्हटलें, 'आतां काय खरें न्ही. फाल्यां आमचें मर्ण. हांगाचे हांगाच दाळटले ते आमकां.' | </p> |
| <p> | दत्तून सट्करून म्हटलें, 'आमी जनाप्पाल्या चेड्याचें नरसूचें नांव सांगुंया आनी मेकळे जावंया...' | </p> |
| <pic> | | </pic> |
| <p> | 'खंय रे?' | </p> |
| <p> | 'खूव पयस. वारीक धार दिस्टीक पडटा. बारीक दिवोड कशी.' | </p> |
| <p> | 'उदकच मरे?' | </p> |
| <p> | 'हय, उदकाचीच न्हंय. लांवची लांव आसा. पूण पयस.' | </p> |
| <p> | 'कितली पयस?' | </p> |
| <p> | 'हें पुराय रान पार करून वचूंक जाय.' | </p> |
| <p> | 'कितलीं वरां लागतलीं?' | </p> |

| | | |
|---|---|---|
| <p> | 'कळना. दनपरां पावताले. ना ना. सांज जातली.' | </p> |
| <p> | हंयच्यान एक उदकाची धार दिस्टीक पडटा म्हण कळटकीर ताका हुरूप येयिल्लेवरी जालो. सगळे सडसडीत उठले पूण रामाप्पा बशिल्लेकडच्यान हाललो ना. गंगारामान म्हटलें, 'आबो, ऊठ या आमी.' | </p> |
| <p> | जाणटेलो सटकरून ताणशेलो, 'तुमी लागात चलूंक. म्हज्यान जाता तशें म्हजेवाटेन हांव चलतलों.' | </p> |
| <p> | पूण गंगारामान मुखार वचून ताका वावळ्यांक धरून उठयलें आनी हातांत बडी दिली, 'या आमी.' | </p> |
| <p> | 'चलात, चलात तुमी. हांव माग काडून फाटल्यान येतां.' | </p> |
| <p> | सगळेजाण चलूंक लागले. वाळप्पालो अरवळ, पिसो चेडो चलताना व्हड व्हडान 'आवयगे,' 'आवयगे' म्हण रडटालो. हो पंदरा वर्सांचो जाल्लो पूम सान भुरग्यावरी वागतालो. आंगान मात वेठोच वाडिल्लो, रान केळीवरी. गोरें भेवडें कशें कळाहीन पसरट तोंड. फळीं कशे लांव रूंद हातपांय. पूम दोळे धवशे मेल्ले. वागपय भुरग्यांचें. तांकां आवय दुरपदी ओडून कशी व्हरताली. हाऊघोंग्याची भिरांत घालताली. | </p> |
| <p> | रानांत चलून ते आतां वरेच भितर पावले. रानांत तांणी पळयले, नरसू आनी रेणू दोगांच सगळ्यांचे फाटीं फाटीं रावतात. रामाप्पाचेय फाटीं. दोगांच आपसांत फुतफुतत एक दुसर्याचो आधार घेत, तेंकून चलतात. गंगाराम मदींच एका ठिकाणार थारलो आनी ताणें व्हडान म्हटलें, 'सोडलां तांणी सगळें, हांचीं कर्तुबां आमी भोगतात आनी हीं लज नाशिल्लीं, हांकां कोणाची भीडमुर्वत ना.' इतल्यान रेणू धप्पकन वाटेरच बसलें. आनी वॉक करून ओकलें. | </p> |
| <p> | गंगावतीन म्हटलें, 'पातकां हीं पातकां. आमी तांकां थंयच फोणांत घालूंक जाय आसलें. असल्या अवचित्रांक लागून आमी त्रासांत पडल्यांत, आतां हांगा चड उणें जाल्यार वोगी रावचे नात. गोपू, तुगेल्या ह्या नश्ट्या चेडवाची गोंवटी आंवळून आदीं मारून उडय.' | </p> |
| <p> | चैत्राचे निमाणे दीस आसले. सगळ्या रानार फिकट हळडुवो रंग पातळिल्लो. कांय पानां झडिल्लीं. झाडां अजूनय तशींच बोडकीं उबीं आसलीं. रान तशें गिर्स्त आशिल्लें अशें म्हणूं नज. खुरटी झाडां, झिलीवाली, कांट्यांनी भरिल्ले कणकिचे मोटवे हिंड. मदींच खंयतरी ऊंच पाचव्याचार रूखांची रूखाळ. | </p> |
| <p> | वोत चडटा तसो वोताचो रखरख त्या जडड्या रानांत देवंक लागलो. झाडांच्यो सावळ्योच जशो वोत पिवन उब्यो आशिल्ल्यो. खिणाखिणाक वोत खर जातालें आनी आंगावेल्यान हुमेच्यो धारो व्हांवताल्यो. रान बकासुरावरी वोतांतल्यान हुनसान ओडून घेतालें आनी तो हुलताप तांचेर सोडटालें. | </p> |
| <p> | भुकेल्ल्या तानेल्ल्या भुरग्यांक रडचेलीय शक्त उरूंक नाशिल्ली. रडूंक लागल्यार मान उडयिल्ल्या सुण्यापेट्यावरी 'चीचीं' सो आवाज ताळ्यांतल्यान भायर सरतालो. मगेर आवश्यो भोव मायेन तांकां आपल्या हडड्यांकडेन ओडून घेताल्यो. त्यो रडूंक लागताल्यो आनी रडटांरडटांच देवाची मनधरणी करताल्यो. 'देवा, असो निश्ठूर जावं नाका. आमच्या भुरग्याबाळांक वाटाय खंयतरी उदकादेगेर व्हरून घाल.' | </p> |

</body></text>
</Doc>